२२-०४-२०२६

सकाळी: ७.२५

# प्रादेशिक खबरो

पोटवेंचणूक -

गोंय राज्य वेंचणूक आयोगान 10 मे 2026 दिसा जावपी चार पंचायती वाड्यांच्यो पोटवेंचणूक जाहीर केल्या.ह्या वेंचणुकेंत सत्तरीचो सातवो प्रभाग (पिस्सुर्ले ) आनी प्रभाग एक (डोंगुरली ठाणे), तिसवाडीचो तिसरो प्रभाग (बेती), आनी सासश्टीचो प्रभाग एक (वेर्णा) हांचो आस्पाव जातलो. हे वेंचणुकेच्या फांटभुयेर 20 एप्रील सावन आचारसंहिता लागू जाल्या आनी ती फकत संबंदीत वॉर्डांक लागू जातली. नामांकनां दाखल करपाची निमाणी तारीक 28 एप्रील, 29 एप्रीलाक छाननी जातली आनी 30 एप्रील मेरेन अर्ज फाटीं घेवपाक मेळतले.

10 मेक सकाळीं 8 ते सांजे 5 मेरेन मतदान जातलें, आनी 11 मेक मतमेजणी जातली.

सी एम - खट्टर

फुडल्या दोन दिसां भितर गौतम खट्टराक अटक करून गोंयांत हाडटले अशें मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी स्पश्ट केलां. अशे तरेन गोंयच्या लोकांची भावना कोणुच दुखोवन शकना अशें मुखेलमंत्र्यांनी म्हळा.. हेविशी म्हायती दिताना मुखेलमंत्र्यांनी म्हळे....

Goa Congress -

2023 वर्साचें बायलांचें आरक्षण विधेयक राज्यसभेंत संमत जालें हें सगळ्यांक खबर आसा. सध्याच्या 543 जाग्यां भितर ताची बेगोबेग अंमलबजावणी करची अशी मागणी विरोधकांनी केल्या.

तशेंच सरकारन हें विधेयक मुखार हाडल्यार सगळ्या विरोधी पक्षांक तेंको दितले अशें सांगून हें विधेयक संसदेंत कित्याक मांडना असो प्रस्न का ॅग्रेस गोंय प्रभारी अंजली निंबाळकार हांणी पणजे काँग्रेस भावनान घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेवेळार केलो. जनगणनेच्या आदाराचेर बायलांचें आरक्षण चालीक लावचें अशे गोय कांग्रेस प्रभारी अंजली निंबळकर हांणी म्हणला.

वसतिघराचें उक्तावण -

शासकीय कला, विज्ञान आनी वाणिज्य महाविद्यालय, खांडोळा हांगा 'अहिल्या' ह्या चलयांच्या वसतिघराचें उक्तावण आयज सकाळीं ९.३० वरांचेर मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकीं जातलें. ह्या वेळार आमदार गोविंद गावडे, आमदार राजेश फळदेसाई, जीएसआयडीसीचे अध्यक्ष मायकल लोबो, शिक्षण सचिव प्रसाद लोलयेकर, उच्च शिक्षण संचालक भूषण सावईकर, जिल्लो पंचायत वांगडी सुनील जल्मी, सरपंच श्रद्धा फडते हाजीर रावतले.

ह्या वसतिघरात २८ सुसज्ज कूड आसून दर एके कुडींत दोन विद्यार्थिनींची रावपाची वेवस्था आसा. सोयऱ्यांखातीर स्वतंत्र कुडींचीय वेवस्था केल्या. वसतिघरात भोजनालय, मनोरंजन कक्ष, योग आनी ध्यान कक्ष, वाचनालय, स्टेशनरी कक्ष आनी लाँड्री अश्यो आधुनिक सुविधा उपलब्ध आसात. हाचे भायर फाटल्या वटेन बॅडमिंटन कोर्टाची लेगीत सोय केल्या जेणेकरून विद्यार्थिनींच्या सर्वांगीण विकासाक हें उपेगी थारतलें.

बीच वॉलीबॉल -

गोंयांत खेळा संस्कृती रुजोवपाक सरकार काम करता, गोंय हे पर्यटन राज्य, मात गोंयातं खेळा पर्यटन फुलचे हाचे कातीर लेगीत सरकारान काम सुरु केला अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी म्हळा. school games federation of indiaच्या ६९ व्या नॅशनल स्कुल गेम्साचे बीच वॉलीबॉल टुअरनामेन्टांचे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी काल उक्तावण केले. त्यावेळार ते मुखेल सोयरे म्हूण उलयताले.

गोंयतल्यान बरे खेळगडी तयार जावचे म्हूण राज्यात खेळांक लागपी  बरी साधन सुविदा  तशेच  बरे प्रशिक्षण दिवपी प्रशिक्षक सरकारान नेमल्यात अशी म्हायतीय मुखेलमंत्र्यानी दिली.

17 वर्सां सकयल्या चले आनी चलयां खातीर बीच व्हॉलीबॉल सर्तीचे 21 ते 23 एप्रील 2026 मेरेन मिरामार दर्यादेगेर आयोजन केला. भारतीय शाळा खेळां महासंघान आनी खेळां आनी तरणाटे वेव्हार संचालनालयान  ही सर्त आयोजीत केल्ल्या .

हयावेळार उलयतना खेळा मंत्री रमेश तवडकार हांणी गोंयांत  पावस पडपाच्या हंगामान खेळगड्यांक  इनडोअर  सुविदा व्हडा प्रमाणात उपल्बध करपाच्या दिकेन सरकार काम करता अशें म्हळे.

एक कळोवणी

प्रसार भारतीन दूरदर्शन केंद्र, पणजी हांगा नैमित्तिक पदां खातिर अर्ज मागयल्यात. इत्सुक उमेदवार ३० एप्रिल २०२६ मेरेन अर्ज करूंक शकतात.

आकाशवाणी पणजी 'कॅज्युअल असाइनीज', न्यूज रीडर-कम-ट्रान्सलेटर हया वर्गवारीत तात्पुरत्या कराराचेर एम्पॅनलमेंट खातीर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयला.उमेदवार पदवीधर आसप गरजेचें. अर्ज करपाक निमणी तारीख आसा 17 मे 2026.